28.01.2025 आकाशवाणी पणजी 6.30 pm

राष्ट्रीय खबरा

<u>सुप्रीम 170</u>

सध्याच्या हुंडाबळी आणि कौटुंबिक हिंसाचार कायद्यांचो दुरुपयोग थांबोवपाक तांचे पुनरावलोकन आणि सुधारणा करपा खातीर तज्ञ समिती नेमपाची मागणी करपाक जनहित याचिका सुप्रीम कोर्टान स्वीकारुंक ना. न्यायमूर्ती बीव्ही नागरथना आणि न्यायमूर्ती सतीश चंद्र शर्मा हांच्या खंडपीठान काल याचिकेर सुनावणी घेवपाक न्हयकार दिलो आणि अशे निरीक्षण नोंदयले की समाज बदलपाक जाय. बेंगळुरूस्थित एका टेक प्रोफेशनलच्या हालीच जाल्या आत्महत्येच्या फाटभुयेर कौटुंबिक हिंसाचार कायद्यात सुधारणा आणि ताचो गैरवापर रोखपाक याचिका दाखल केल्ली. याचिकेत अशा कायद्यांचो गैरवापर रोखपक मार्गदर्शक तत्त्वांची मागणी केल्ली. लग्ना वेळार दिल्यो वस्तू/भेटवस्तू/पैशांची यादी नोंदोवन प्रतिज्ञापत्रासयत दवरपाक आणि ताची नोंद लग्न नोंदणी प्रमाणपत्रा वांगडा जोडून दिवपा खातीर सरकाराक निर्देश दीवपाची मागणीय याचिकेत केल्या. याचिकेत म्हणला की हुंडा बंदी कायदो आणि IPC चे कलम 498A हे लग्न जाल्या बायलांक  हुंड्याची मागणी आणि छळापासून संरक्षण करपाक अआशिल्ले पुण आमच्या देशात हे कायदे अनावश्यक आणि बेकायदेशीर मागण्यो करपा खातीर  आणि घोवाच्या कुटुंबाक दडपण हाडपाक  शस्त्रा थारतात. घोव बायले मदी वाद जातात. हुंडाप्रकरणात दादल्यांक फटीच्या प्रकरणानी  गुंतवपाच्यो खुपशो घडणुको आणि प्रकरणा मुखार आयल्यात जाका लागुन अत्यंत दुःखद अंत जाल्यात आणि आपल्या न्याय आणि गुन्हेगारी तपास यंत्रणेरुय प्रश्न निर्माण जाल्यात.

<u>गडकरी 120</u>

केंद्रीय रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी आज सांगला की 2024त  सुमार 5 लाख रस्ते अपघात आणि 1.80 लाख लोक मरण पावल्यात. नवी दिल्लीत केंद्राच्या ग्रामीण विकास आणि तंत्रज्ञानाच्या प्रकल्प अभयच्या समारोप कार्यक्रमात उलयतांना गडकरी हांणी म्हणले की, 66 टक्के 18 ते 34 वयोगटातले मरण आयिल्ले लोक आसात जे रस्ते अपघातांत मेल्यात आणि हाका  लागुन  देशाच्या वार्षिक GDP त ३ टक्के लुकसान जाता अशेय तांणी सांगले. निर्यातीक चालना दिवपाक लॉजिस्टिक खर्च कमी करपाच्या गरजेचेरुप  गडकरींनी भर दिलो. प्रकल्प अभयचा पायलट टप्पो यशस्वीरित्या

पूराय केल्याबद्दल कौतुक करताना, मंत्र्यांनी ट्रक चालकांची संख्या वाढवपाची तातडीची गरज आशिल्याचे नमूद केले, कारण देशात सध्या 22 लाख चालकांची कमी आसा. प्रकल्प अभय हो देशभरातल्या ट्रक चालकांचे जीवन सुधारपाच्या उद्देशान एक उपक्रम आसा. गेल्या वर्षभरात, या उपक्रमाचो स राज्या आणि 15 शारांमधल्या 50,000 ट्रक चालकांच्या जीवनार सकारात्मक परिणाम झाला अशे तांणी सांगले

<u>सीतारामन 125</u>

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन फुडल्या महिन्याच्या 1 तारखेक 2025-26 या आर्थिक वर्षाखातीर केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर करतली . आगामी अर्थसंकल्पात देशांतर्गत आणि जागतिक आव्हानांक फुडो करपाक सरकाराच्या आर्थिक प्राधान्यक्रम आणि वित्तीय धोरणांचे अनावरण करप अपेक्षित आसा. यावेळार सरकार देशात मजबूत मुळाव्यो सुविधा निर्माण करपाचेर भर दिवन वाढ, रोजगार निर्मिती आणि वित्तीय विवेकाचेर भर दितले, अशी तज्ज्ञ आणि लोकांची अपेक्षा आसा. केंद्रीय अर्थसंकल्पाच्या सादरीकरणा आदी एका खास मालिकेत आकाशवाणी न्यूज केंद्रीय अर्थसंकल्पाकडच्यान तज्ज्ञ आणि लोकांच्यो अपेक्षा घेवन येता. आकाशवाणी न्यूजाकडे उलयताना, फेडरेशन ऑफ इंडियन चेंबर्स ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री फिक्कीची महासंचालक ज्योती विज हांणी सांगते की केंद्रीय अर्थसंकल्पान दीर्घकालीन वाढीच्या बळकटीर भर दिवप गरजेचे आसा.कॉन्फेडरेशन ऑफ इंडियन इंडस्ट्री CII ICTE समितीचे अध्यक्ष विनोद कुमार हांणी उत्पादन आणि रोजगार निर्मितीर अधिक लक्ष केंद्रित करतले अशी आशा व्यक्त केली.

<u>मोदी 125</u>

पूर्व भारत हे देशाचे ग्रोथ इंजिन आसा आणि ओडिशा हो ताचो महत्त्वाचो भाग आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आज भुवनेश्वरात 'उत्कर्ष ओडिशा, मेक-इन-ओडिशा कॉन्क्लेव्ह'चे उक्तावण करतांना म्हणले. 'उत्कर्ष ओडिशा' हे ओडिशा सरकारान आयोजित केल्ले मुखेल जागतिक गुंतवणूक शिखर संमेलन आसा, जाचे उद्दिष्ट राज्याक गुंतवणूकीची मुखेल सुवात आणि औद्योगिक केंद्र म्हणून भारतात स्थान दिवपाच्या उद्देशान आसा.परिशदेत उलयताना प्रधान मंत्री मोदी हांणी म्हणले की, पूर्व भारत हे देशाच्या वाढीचे इंजिन आसा, या प्रगतीत ओडिशान महत्त्वाची भूमिका निभायल्या. फक्त कच्च्या मालाच्या निर्याती वरवी जलद वाढ शक्य ना हाचेर प्रधान मंत्रयन भर दिलो आणि ही

प्रवृत्ती पूर्ववत करपा खातीर संपूर्ण औद्योगिक परिसंस्था सुधारपाच्या भारताच्या प्रयत्नाचेर उजवाड घाल मोदींनी संशोधन आणि नावीन्यपूर्ण वातावरणा खातीर एक दोलायमान परिसंस्था निर्माण करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो आणि उद्योगांक या प्रयत्नात सरकारा वांगडा सहकार्य करपाचे आवाहन केले.

राय 90

लाला लजपत राय हांच्या 160 व्या जयंतीनिमित्त आज राष्ट्र तांचे स्मरण करता. दिग्गज स्वातंत्र्यसैनिक आणि स्वदेशी चळवळीचे ध्वजवाहक लाला लजपत राय हांचो जन्म १८६५ क ब्रिटिश भारतातल्या पंजाब प्रांतातलया तत्कालीन फरीदकोट जिल्ह्यातल्या धुडीके हांगा जालो. तांचे बापुय मुन्शी राधा कृष्ण हे सरकारी शाळेत शिक्षक आशिल्ले आणि आवयचे नाव गुलाब देवी आशिल्ले. भारताच्या स्वातंत्र्यलढ्यात ताणी मोलाची भूमिका निभायली. पंजाब केसरी म्हणून ओळख आशिले लाला लजपतराय ऑक्टोबर 1928 त पोलिसांनी केल्या लाठीचार्ज वेळार तांच्या तकलेक गंभीर दुखापत झाल्यान तांका मरण आयले. लालाजी अखिल ब्रिटीश सायमन कमिशनच्या विरोधात शांततापूर्ण निषेध मोर्चाचे फुडारपण करतासताना पोलिसांनी लाठीचार्ज केलो.